Aakashwani Panaji 19 February 2025 National

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आसामांतल्या जोगीघोपांत ब्रह्मपुत्राचेर आशिल्ल्या अंतर्देशीय उदकामार्ग येरादारी, आयडब्ल्यूटी टर्मिनल, राष्ट्रीय उदकामार्ग-2 च्या उक्तावणाची तोखणाय केल्या. मुळाव्या साधनसुविधा सुदारपाचें आनी उदकामार्गांक चालना दिवपाचें म्हत्वाचें पावल अशें तांणी ह्या वाठाराचे प्रगती आनी समृध्दीचें वर्णन केलें.केंद्रीय बंदरां, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी भूतानाचे अर्थमंत्री लायनपो नामग्याल दोर्जी हांचे वांगडा जोगीघोप हांगा आयडब्ल्यूटी टर्मिनलाचें उक्तावण केलें. हें टर्मिनल भूतानांतल्या गेलेफूसावन 91 km ., बांगलादेशाचे शिमेसावन 108 km, गुवाहाटीसावन 147 km आसा.

---

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार आयज नवी दिल्लींतल्या वेंचणूक आयोगाच्या कार्यालयांत आपलो प्रभार घेवपाचे आसात. काल राजीव कुमाराचो वेंचणूक संस्थेचो मुखेली म्हूण कार्यकाळ सोंपतकच ताची नेमणूक जाल्या. केरळ कॅडराच्या एकोणीशे अठ्ठयायशी वर्साच्या बॅचांतलो आदलो आयएएस अधिकारी ज्ञानेश कुमार हाचे पयलीं संसदीय वेव्हार मंत्रालयांत सचीव पदाचेर आशिल्ले. हरियाणा कॅडराच्या एकोणीशे एकूण नव्वद वर्साच्या बॅचांतलो आयएएस अधिकारी विवेक जोशी हांची 17 फेब्रुवारीक नवो वेंचणूक आयुक्त म्हणून नेमणूक जाली.

---

भारत आनी कतार हांणी आपले द्विपक्षीय संबंद रणनिती भागीदारींत व्हरपाचें मान्य केलां. नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी कताराचे अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांचे मदीं प्रतिनिधी पांवड्यावेल्या उलोवणे उपरांत दोनूय देशां मदीं हे संबंदी कबलात जाली.काल सांजवेळार राष्ट्रीय राजधानींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयांचे सचीव अरुण कुमार चॅटर्जी हांणी दोनूय राश्ट्रां मदीं दोन करार आनी पांच संजिकायेचे कबलात जाल्यात अशें सांगलें . पयली कबलात द्विपक्षीय रणनिती भागीदारी स्थापन करपा विशीं आसा अशें तांणी सांगलें. तशेंच दोनूय देशांमदीं दुप्पट कर टाळपाची

सुदारीत कबलात जाली.तशेंच फुडल्या पांच वर्सांत दोनूय देशांनी वर्साक दुपेटीन 28 अब्ज डॉलर मेरेन वेपार करपाचें मान्य केलां.

---

दिल्ली भाजपा विधीमंडळ पक्षाची बसका आयज नवी दिल्लींत जातली. भाजपाचे नवे वेंचून आयिल्ले सगले आमदार आनी पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी ह्या विचारविनिमयांत वांटो घेतले. पक्षाच्या सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण हे बसके वेळार दिल्लीच्या फुडल्या मुखेलमंत्र्यांचे  नांव निश्चीत जावपाची शक्यताय आसा. मुखेलमंत्री पदाखातीर सोपूत  सुवाळो आयतारा राष्ट्रीय राजधानींतल्या रामलीला मैदानाचेर जावपाची शक्यताय आसा. दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपान  70 सुवाती मदल्या 48 सुवातींचेर  जैत मेळयल्लें.

---

छत्रपती शिवाजी महाराजाचो  जल्मदीस आयज महाराष्ट्रांत देशभर  मनयतात. ह्या निमतान पुराय देशभर उमेदीन वेगवेगळे कार्यावळी घडोवन हाडल्यात.चत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जल्मस्थान आशिल्ल्या किल्ल्या शिवनेरी हांगाय दीसभर कार्यावळ घडोवन हाडटाल्यो.  महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री  देवेंद्र फडनवीस आयज सकाळीं शिवनेरी किल्ल्यांत हाजीर आसतले आनी चत्रपती शिवाजी महाराजाच्या जल्म उत्सव कार्यावळींत वांटो घेतले.जुन्नर जिल्लो आयुक्त जितेंद्र दुदी हांणी सकाळीं पयलींच शिवनेरी किल्ल्याचेर पूजा केली.शिवजयंतीच्या आदल्या दिसा उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे हांणी काल मुंबयच्या चेंबूर हांगा छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या पुतळ्याक फुलांची माळ ओपली . सध्याच्या पुतळ्याचे सुवातेर बेगीनूच चेम्बूरांत नवी  ऊंच मूर्त स्थापन करतले अशें तांणी जाहीर केलें. हे संबंदी निर्णय आनी कारवाय बेगीन जातली अशें तांणी फुडें सांगलें.

---

मिजोरम विधानसभेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची सुरवात आयज राज्यपाल जनरल विजय कुमार सिंगाच्या रुढी प्रमाण उलोवपा वरवीं जातली. राज्य विद्यापीठ विधेयक सयत चार सरकारी विधेयक अधिवेशना  खातीर सभापती लालबियाकझामा कडेन मेळ्ळ्यात आनी तांकां मान्यताय दिल्या. आनीक तीन सरकारी विधेयक सभापतीचे मान्यतायेची वाट पळयतात.घरांत जाप दिवपाचे

उण्यांत उणे पंचायशी  खाजगी थाराव आनी आठशे तेत्तीस  प्रस्न, तशेंच लेखी जाप दिवपाचे शाण्णव   प्रस्नांकय विधानसभा सचिवालयाक मेळ्ळ्यात.

---

दोन थळाव्या लोकांक अमेरिकेत बेकायदेशीर प्रवासात मदत केल्याबद्दल आनी तांची १८.५ लाख रुपयांची फसवणूक केल्याबद्दल एका एजंटाचेर गोंय पुलिसांनी केस नोंद केल्या अशें एका अधिकाऱ्यान सांगलें. वास्को काम करपी स्टॅनली जॉर्जाचेर फसवणुकीच्या आरोपांत एफआयआर दाखल केला अशें पुलीस उपअधीक्षक गुरूदास कदमान पीटीआय कडेन उलयतना सांगलें. राज्यांतले दोन रहिवासी, जांची वळख पुलिसांनी उक्ती करूंक ना, ते शेनवारा रातीं भारतीय निर्वासितांक घेवन वचपी विमानांतल्यान अमृतसर विमानतळार देंवले.आयतारा दोगांय गोंयांत पावले आनी तांची पुलिसांनी चवकशी केली.जॉर्जान ताका अमेरिकेंत नोकऱ्यो दिवपाचें उतर दिलां अशें कदमान सांगलें. बेकायदेशीर रितीन अमेरिकेंत प्रवेश करपाचो यत्न करतना ह्या दोगांयक मेक्सिकोंत अटक केल्ली आनी अमेरिकेच्या सरकारान तांकां (भारतांत) हद्दपार केले,अशें तांणी सांगलें. अमृतसरांतल्यान दोनूय सरकारी नागरिक विमानांतल्यान आयल्यात अशें राज्याचे प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावईकार हांणी सांगिल्लें. **5** फेब्रुवारीक **104** बेकायदेशीर भारतीय स्थलांतरीत लोकांचो पयलो गट घेवन अमेरिकेचें लश्करी विमान अमृतसरांत देंवलें. शेनवारा आनीक **116** निर्वासित पावले, तातूंत गोंयचे दोन मूळ रहिवाशांचो समावेश आसा.

---

शारांतल्या 15 वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या लोकांचें बेकारीचें प्रमाण ऑक्टोबर-डिसेंबर तिमाहींत 6.4 टक्क्यांनी देंवलें. चालू अर्थीक वर्साच्या डिसेंबर तिमाहींत बेकारीचें प्रमाण 6.5 टक्के आशिल्लें.सांख्यिकी मंत्रालयान , शारांतल्या वाठारांनी 15 वर्सां आनी  कामगार बळग्याचो सहभाग दर ऑक्टोबर - डिसेंबर 2024 वर्सा 50.4 टक्क्यां मेरेन वाडला अशे सांगलें .2023 वर्सा ऑक्टोबर - डिसेंबर तिमाहीत एकूणपन्नास पूज्य णव  टक्के  आशिल्लो.

---

ह्या म्हयन्याच्या 26 तारखे उपरांत प्रयागराज महाकुंभ वाडयला अशें  उत्तर प्रदेश सरकार आनी महाकुंभ मेला प्राधिकरणान न्हयकारला . सोशल मिडियाचेर व्हड

प्रमाणांत पातळिल्ली ही खबर  पुरायपणान फटीची आसा अशें प्रयागराज जिल्हो दंडाधिकारी रविंद्र मांडाद हांणी स्पश्ट केलें.

---

युनायटेड किंगडमाचे  आदलो प्रधानमंत्री ऋषि सुनक हाणी आपल्या कुटुंबा सयत काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीची भेट घेतली . सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी  हांणी  जायत्या विशयांचेर अद्भुत संवाद सादले अशे सांगला  . तशेंच सुनक भारताचे □श्ट आनी भारत-ब्रिटनाचे संबंद आनीक घटमूट करपाची □त्सा बाळगीता  अशें तांणी सांगलें.

---

करदात्या सेवा महासंचालनालय, मुंबय विभागीय युनिटान भारतीय चार्टर्ड अकाउंटंट संस्थेच्या वेस्टर्न □डिया प्रादेशिक काउन्सिलाच्या नवी मुंबय शाखेच्या सहकार्यान काल नवी मुंबय हांगा 'जीएसटी आनी कस्टम आउटरीच प्रोग्राम ऑन ईज ऑफ डू□ग बिझनेस - फोकस ऑन एमएसएमई' ह्या विशयाचेर परिसंवाद घडोवन हाडलो. जीएसटी आनी कस्टम नियमना विशीं मोलादीक म्हायती दिवन एमएसएमई खातीर वेवसाय करपाक सोयीचो प्रसार करपाचो हे परिसंवादांत आशिल्लो. परिसंवादांत मार्गदर्शन करतना करदत्याच्या सेवांचो महासंचालक, केंद्रीय अप्रत्यक्ष कर आनी कस्टम मंडळ महेश कुमार रुस्तोगी हांणी म्हाल आनी सेवा कर हो फेडरल कर आशिल्ल्यान जीएसटी काउन्सिलांतल्यान निर्णय घेवप गरजेचें आसता आनी ताका लागून एकमतीन चलपी पद्दत सुनिश्चीत जाता अशे सांगला . हे सहकार पद्दतीन राज्य कर दरांत बदल करपाच्या आव्हानांक प्रभावीपणान तोंड दिलां आनी समान खेळाचें मैदान वाडयलां.

---

भारतीय  हवामान खात्यान आयज उपहिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांतल्या एकसुरे सुवातांनी  दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला . अरुणाचल प्रदेशात  एकसुरे सुवातेर पावस वा बर्फ पडपाची शक्यताय आसा अशें म्हणलां.

---